आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खबरा विभागा

Panaji regional 2.1.2026 at 7.20 pm

मुखेल खबरो

- नोव्हेंबराच्या निमाणे मेरेन अर्थसंकल्पांतल्यान निधीचो choppn takke वापर जाला; जाल्यार उरील्लया निधीचो उपेग 31 मार्च मेरेन जातलो अशे मुखेलमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत ह्यांनी म्हणला
- आतां मेरेन 12 खनिज ब्लॉक लिलाव जाल्यात, तातूंतले 5 पयलींच कार्यरत आसात आनी 4 बेगीन सुरू जावपाचे आसा अशी महायती मुखेलमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत ह्यांनी दिली
- ख्रिसमसच्या वेळार उत्तर आणि दक्षिण भारतात ख्रिश्चनां चेर जाल्या हल्ल्यांचो निषेध करपी निवेदन राज्यपालांक CATHOLIC ASSN OF GOAN सादर केले
- सां जुझे आरियल वाठारांत आशिल्ल्या उद्येगिक वसणुके लागसार आशिल्ले दोन बेकायदेशीर भंगार अड्डे आयज पंचायतीन मोडले.

Cm Rashmi 90

नोव्हेंबराच्या निमाणे मेरेन अर्थसंकल्पांतल्यान निधीचो choppn takke वापर जाला; जाल्यार उरील्लया निधीचो उपेग 31 मार्च मेरेन जातलो.अ र्थसंकल्पा/वरवी प्रस्तावीत जी कामा घेतल्या ताका पंचणणव टक्के निधीचो उपेग जातलो अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. पर्वरे मंत्रालयात अर्थसंकल्पिय आस्वासना उपरातं हातात घेतील्ले प्रक्लप तशेचं हेर कामा आनी ताचेखातीर निदीचो उपेग हांचो नियाळ घेवाप आयज मुखेलमंत्र्याच्य अध्यक्षतेखाला वित्त खाते, तशेच वेगेवगल्या खाते प्रमुकाची बसका जाली. जे प्रक्लप पुराय करपाचे आस्वासन

सरकारान दिल्ले  ताचेर काम सुरु जाला अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. जाल्यार हे फावट जी.एस.टी कपातीचो परिणाम येणावळीचेर जाला अशे मुखेलमंत्री तशेंच वित्त मंत्री ह्या नात्यान दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मान्य केला. Byte cm gst

Cm2 rashmi 50

आतां मेरेन 12 खनिज ब्लॉक लिलाव जाल्यात, तातूंतले 5 पयलींच कार्यरत आसात आनी 4 बेगीन सुरू जावपाचे आसा. फुडल्या म्हयन्यांत आनीक स ब्लॉक लिलावा खातीर वयतले; खाजगी जमनीचेर डंप उखलपाक 5 कंपनींक संमती दिल्या, आनी सरकाराच्या धोरणांतल्यान डंप लिलाव ह्या म्हयन्यांत सुरू जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज पर्वरी मंत्रालयात खण वेवसायांविंशी जाल्लया बसके उपरांत दिल्या.

रश्मि फ्लाइट

गोंयांत आंतरराष्ट्रीय चार्टर विमानां येवपाचे प्रमाण वाडला. 30 डिसेंबर 2025 दिसा मॉस्कोच्यान नॉर्डविंड एअरलायन्साची चार्टर विमान गोंयांत देंवली आनी तातूंत 360 प्रवासी आशिल्ले. ताचे उपरांत 31 डिसेंबर 2025 दिसा येकातेरिन/बर्गांतल्यान आनीक एक नॉर्डविंड एअरलायन्स चार्टर आयलो आनी तातूंत 373 प्रवासी आशिल्ले. ते भायर फ्लाय एरिस्तानान 30 डिसेंबर 2025 दिसा आस्ताना सावन चार्टर विमान चालीक लायली आनी तातूंत 176 प्रवासी आयल्यात अशी म्हायती गोंय पर्यटन खात्यान दील्या.

चार्टर आगमनांक येवकार दितना पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणले की "आंतरराश्ट्रीय पर्यटक येवप तिगोवन दवरपाक चार्टर कार्यावळींचें म्हत्वाचें योगदान आसा.पर्यटन खातें विमान कंपन्यो, विमानतळ अधिकाऱ्यां वांगडा, आनी पर्यटन भाग/धारकां वांगडा गोंय पर्यटन खाते लागींच्यान वावुरता, सुगम सुलभताय सुनिश्चीत करपा खातीर आनी उदरगतशील आनी स्थापन जाल्ल्या जागतीक पर्यटन मार्केटात

गोंय पर्यटनाक चडान चड प्रसिद्ध करपा खातीर गोंय सरकाराचें पर्यटन खातें आंतरराष्ट्रीय जोडणी वाडोवपाक, स्त्रोत बाजारपेठेंत विविधताय हाडपाक आनी लक्ष केंद्रीत केल्ल्या आनी रणनितीच्या पर्यटन उपक्रमां वरवीं काम करता.गोंय वर्सभर एक बेसबरे पर्यटन थंळ जावचे म्हणून पर्यटन खाते वेगवगळे उपक्रम चालीक लायता अशी म्हायती तांणी हेवेळार दीली.

हयो खबरो तुमी आकाशवाणी पणजी केंद्रयावेल्यान आयकतात

Cag Mahesh 40

ख्रिसमसच्या वेळार उत्तर आणि दक्षिण भारतात ख्रिश्चनां चेर जाल्या हल्ल्यांचो निषेध करपी निवेदन राज्यपालांक सादर केल्या उपरांत कॅथोलिक असोसिएशन ऑफ गोवा (कॅग) न लोकभवन, डोना पॉला भायर निदर्शनां केली; कॅगचे सिरिल फर्नांडिस हाणी म्हणा .ले की अल्पसंख्याक हे दुय्यम दर्जाचे नागरिक ना आणि ताणी अनैतिक छळा आड कारवायेची मागणी केली.byte

सुशांत 80

सां जुझे आरियल वाठारांत आशिल्ल्या उद्येगिक वसणुके लागसार आशिल्ले दोन बेकायदेशीर भंगार अड्डे आयज पंचायतीन मोडले. ह्या वाठारांत सुमार 40 भंगार अड्डे आनी हेर बेकायदेशीर बांदकामां आसात आनी ह्या खंयच्याच बांदकामा खातीर पंचायतीन परवानगी दिवंक ना अशी म्हायती थळाव्यो सरपंच जॉयस डायस हांणी दिली.

हाचे आदीं न्यायालयान आयज मोडून उडयल्लीं दोन बेकायदेशीर बांदकामां मोडपाचो आदेश दिल्लो. ह्या बेकायदेशीर बांदाकामां आड 2015 वर्सा नोटीस दिल्ली आनी

बांदकामा मालकांनी स्वत: जावन मोडची अशी सुचोवणी केल्ली. पूण बांदकामाच्या मालकांनी स्वताच्या हातान ह्यो बांदावळ काडूंक नाशिल्ल्यान पंचायतीक ही कारवाय करची पडली अशें डायस हांणी सांगलें.

Curtain raiser subhash  90

बुलबुल बाल चित्रपट महोत्सवाच्या आयोजनाचो एक वाटो म्हूण ५ जानेवारी दिसा शाळांचे मुखेली, शिक्षक आनी पालका खातीर खासा 'कर्टन रेजर' कार्यावळ आयोजित केल्या. रविंद्र भवन मडगावा सकाळी ९ वरांचेर जावपी उपचारीक कार्यावळी उपरांत ' ताण वेवस्थापन ' ह्या विशयाचेर डॉ.अरविंद मुनी हांचे व्याख्यान आसतले. बुलबुल" बाल आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाची ओंदुची तिसरी आवृत्ती. म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें हो चित्रपट महोत्सव घडोवन हाडटा. ह्या महोत्सवाच्या उक्तावणाचो एक वांटो म्हण ही कर्टन रेजर कार्यावळ घडोवन हाडल्या.

Prasad 2 –  60

गोवा कोंकणी अकादेमी, वर्धा प्रकाशन आनी शिरोडा कोंकणी सेवा केंद्र, ह्यांनी अंदू वर्सा एका दिसाचें बाल साहित्य कृतिसत्र आयोजन केलां. हें बाल साहित्य कृतिसत्र कार्यशाळा 10 जानेवारी 2026, सकाळीं सवा णव तें सांजेवेळां 4.30 वरां मेरेन चलतलें. शिवशैल शिरोडेच्या आशा सभाघरांत आयोजन केलां. ह्या कृतिसत्रांत यत्ता आठवी, णवी आनी इकरावेची उच्च माध्यमिक विद्याथ्र्यी वांटेकर जातलीं.

खेडेकर महेश   80

तॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्र आनी एथरनेट एक्सप्रेस फावंडेशन ह्या संस्थांच्या जोडपालवान सुरु केल्ल्या 'लेट्स ऑनर अवर हिरो' हे कार्यावळी खाला ज्येश्ठ लोकसंस्कृती संशोधक आनी पद्मश्री दिवन भारत सरकारान गौरव केल्ले वीनायक

खेडेकार हांचो गौरव-सुवाळो बुधवार 7 जानेवारी 2026 ह्या दिसा सांजे 5.00 वरांचेर थारायला. ही कार्यावळ तॉमास स्टीवन्स कोंकणी केंद्राच्या सभाघरांत जातली आनी ती सगल्यां खातीर उक्ती आसतली.

Prasad 1 – 160

मडकाईच्या GIDC सभाघरात स्टँडर्ड इपॉक्सी मटेरियल्स, मडकई आनी लायन्स क्लब ऑफ फोंडा, हांच्या सहकारान घडोवन हाडीलें 11 वें रगतदान शिबिर संपन्न झाले. ह्या सुवाळ्याक मूखेल सोयरे म्हूण वीज मंत्री सुदीन ढवलीकर, फोंडा लायन्स क्लबाचे अध्यक्ष शिवप्रसाद साळकार आणि हेर मानेस्त हाजिर आशीलले

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३1.4 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान १7.4 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले. हलके ते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता

Sports 50

गोंयच्या दादल्यांच्या लगोरी पंगडान 11वे राष्ट्रीय सिनियर लागोरी चॅम्पियनशीपांत विजेतेपद मेळयलें. ही सर्त तमिळनाडूच्या चेन्नय शारांत जाल्ली.

गोंयच्या दादल्यांच्या पंगडान फायनलींत उत्तर प्रदेश पंगडाक हारयलो. ताचे आदीं गट ब च्या मॅचींत गोंयान उत्तर प्रदेशाक हारयल्ले . गट टप्प्यांतल्या हेर मॅचींनी तांणी आंध्र प्रदेश आनी छत्तीसगडाछोय पराभव केल्लो . गोंयचो कर्णधार नारायण गावाडे हो सर्तींतलो सगळ्यांत बरो डोजर थारलो

आता खबरो सोपोवचे पायली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- नोव्हेंबराच्या निमाणे मेरेन अर्थसंकल्पांतल्यान निधीचो choppn takke वापर जाला; जाल्यार उरील्लया निधीचो उपेग 31 मार्च मेरेन जातलो अशे मुखेलमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत ह्यांनी म्हणला
- आतां मेरेन 12 खनिज ब्लॉक लिलाव जाल्यात, तातूंतले 5 पयलींच कार्यरत आसात आनी 4 बेगीन सुरू जावपाचे आसा अशी महायती मुखेलमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत ह्यांनी दिली
- ख्रिसमसच्या वेळार उत्तर आणि दक्षिण भारतात ख्रिश्चनां चेर जाल्या हल्ल्यांचो निषेध करपी निवेदन राज्यपालांक सादर केले
- सां जुझे आरियल वाठारांत आशिल्ल्या उद्येगिक वसणुके लागसार आशिल्ले दोन बेकायदेशीर भंगार अड्डे आयज पंचायतीन मोडले.